**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लाकांक ओणम सणाची परबीं**

ता. 20 ऑगस्ट 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळातल्या बाधवांक फाल्या 21 ऑगस्टाक मनोवपात येवपी ओणम सणाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, आयच्या ह्या ओणम सणाच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळातल्या म्हज्या भावां-भयणांक परबीं भेटयता.

ओणम हो रंगयाळो आनी उमेदीचो राष्ट्रीय सण परोपकारी आनी दयावंत राजा महाबली आपल्या घरा परत आयिल्ल्या उमेदीच्या प्रसंगाच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा मनोवपात येता. ह्या म्हान राजाक येवकार दिवपाक घरांमुखार फुलांची सजावट करतात आनी आनंद आनी भरभराटीखातीर प्रार्थना करतात. हो 10 दिसांचो उत्सव व्हडा उमेदीन आनी दबाजान सांस्कृतीक मेजवानी सयत मनयतात. ह्या सणाचे खाशेलपण म्हळ्यार हो सण हेर समाजांवतीनय तितक्याच उमेदीन मनोवपात येता.

ओणम सारख्या उत्सवांनी सगळ्यां समाजांतले लोक सामील जाता आशिल्ल्यान आमच्या देशाचो सांस्कृतीक वारसो आनीक समृध्द जाता. अशा उत्सवांतल्यान लोकांमदी एकवट आनी आपलेपणाचे नाते मजबूत जाता. अशें उत्सव विविधतायेत एकजूट ह्या तत्वाविशीं आमचो भावार्थ आनीक घट करता.

ह्या वर्सा आमी ओणम सण मनयताना राज्य सरकारान जारी केल्ल्या कोवीडाचे निर्बंध आनी नेमांक पाळो दिवपाची हांव मागणी करता. हांव तुमकां सगळ्यांक सुरक्षीत आनी निरोगी रावपाचो उलो मारता.

ओणम सण प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी आनंद घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/713

--

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji